# Panji regional news 20 dec 2025,7.20pm

## जिल्हा पंचायत

राज्यात जिल्हो पंचायतीच्या वेचणुकेत सांजे 4 मेरेन 63.59 टक्के मतदान जाले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी कोठम्बी हांगा मतदान केले. राज्यातल्या 50 मतदारसंघात 1284 पोलिंग बुथांनी सकाळी 8 वराचेर मतदानाक सुरवात जाली. 4 वरां मेरेन 8,68,637 मतदारा मदल्या 5,52,807 मतदान केल्ले. उत्तर गोंयच्या 25 मतदारसंघानी 65.34 टक्के जाल्यार दक्षिण गोंयच्या 25 मतदारसंघानी 61.78 टक्के मतदान जाले. सत्तरी केरी मतदारसंघात सगल्यांत चड 82.64 टक्के. जाल्यार कुठ्ठाळी मतदारसंघांत सगल्यांत उणे 49.36 टक्के मतदान जाले. सांजे 5 वरा मेरेन मतदान चलतले. सोमारा 22 तारखेक मतमेजणी जातली. 50 मतदारसंघात 226 उमेदवार रिंगणात आसा.

## दक्षिण गोंयांत मतदान

मडगाव: जिल्हो पंचायत वेंचणुकेखातीर दक्षिण गोंयांतल्यान २५ जिल्हा पंचायत वांगडी वेंचून काडपाखातीर आयज जाल्ले मतदान सवस्तकायेन तसेच जाले.काणकोण, केपे, सांगे, धारबांदोडा आनी फोंडे ह्या चार तालुक्यात जाल्ले मतदान ७० ते ७५ टक्के इतले जाल्ले आसून त्यामानान साश्टी आनी मुरगाव तालुक्यात जाल्ले मतदान ६० ते ६२ टक्क्यांच्या लागसार आसा. आयज सांजवेळा ४ वरांमेरेन दक्षिण गोंयांत ६१.७८ टक्के मतदान जाल्लें.अायज सकाळी ८ वरांसावन मतदान सुरु जाल्ले मात पयल्या दोन वरांत फकत १० टक्केच मतदान जाल्ले. दनपरां १२ वरांमेरेन हे प्रमाण २५ टक्क्यांमेरेन पाविल्ले. दनपारच्या उपरांत ह्या मतदानात नेट आयिल्लो. ह्या मतदानात कांय जाण्ट्यांनी मतदान केंद्राचेर येवन मतदान केले. अशा मतदारांखातीर व्हील चेअरांची तजवीज केल्ली.दक्षिण गोंयांत खंयचेय सुवातीर कसली वायट घडणूक घडली ना अशी म्हायती दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी दिली.

## 160 दिवचल

दिवचल तालुक्यातल्या चारुय जिल्हो पंचायत मतदार संघात आयज  शांततापूर्ण मतदान प्रक्रिया पुराय जाली. दिवचल तालुका वाटारात वट्ट  62 हजार 90 मतदार आसात .30367 पुरुष तर 31 हजार 723 बायला मतदार आसात. दिवचल  मतदार संघात लाटमबार्से, मये ,कारापूर सर्वण आणि पाळी या चार जिल्हा पंचायत मतदार संघातल्यान एकूण 15 उमेदवारांचे भवितव्य आयज मतपेटीत बंद जाले .वट बासष्ट हजार 90 मतदार या 15 उमेदवारांचे भवितव्य थारायतले .दिवचल तालुक्यात चार मतदारसंघात वट्ट 103 मतदार केंद्राचेर आज मतदान जाले. मतदारांची संख्या लक्षात घेतल्यार जाणवता की चारुय मतदार संघात बायला मतदारांची संख्या दादल्या मतदारांपेक्षा चढ आसा आनी हांगसर बायला मतदार या चारुय सुवांतेर महत्त्वपूर्ण योगदान दीतलीं.साखळीचे आमदार तशेच मुख्य मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये आनी मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट शेठ तशेच काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड ,आप तशेंच अपक्ष उमेदवारानी आपापल्या मतदान केंद्रार वचून  मतदान केलें.मजगती मतदान प्रक्रिया व्यवस्थित पुराय करून घेवपाखातीर दिवचल मुख्य निवडणूक अधिकारी श्रीकांत पेडणेकर तशेच उप निवडणूक अधिकारी ओंकार मांजरेकर आनी हेर सहकाऱ्यांनी महत्त्वपूर्ण भूमिका साकारली.

## भारत विकास परिषद

भारत विकास परिषद आनी हर घर सावरकर योजना पुणे हांच्या संयुक्त जोडपालवान फाल्या 21 डिसेंबर 2025 या दिस सांजवेळ 4:30 वरांचेर दिवचले हांगसर श्री छत्रपती शिवाजी महाराज शाळा संकुलात स्वातंत्र्यवीर सावरकर हांचेर बरयल्या लेखनाचेर आधारित एक खास कार्यावळ जातली. या सोहळयाक मुखेल सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.मानाचे सोयरे म्हुण केंद्रीय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक, दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मयेचे आमदार  प्रेमेन्द्र शेट तशेच दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार

नाटेकर हजर आसतले. श्री सात्यकी सावरकर हे मुखेल वक्ते म्हणून हजर असतले. रसिकांनी व्हडा संखेन हे कार्यावळीक हजर रावचें असो उलो दिवचल भारत विकास परिषदेन मारला.

## फळफळावळ म्हामंडळ

नाताळ तशेंच नव्या वर्साच्या हंगामांत आनी चडांत चड पर्यटक गोंयात येवपाच्या काळांत, गोंय राज्य फळफळावळ म्हामंडळ सोमारा सावन भाजीपाल्याची खरेदी सुमार २० टक्क्यांनी वाडयतले अशी म्हायती म्हामंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या.कांदो, बटाट, टोमॅटो अशा गरजेच्या वस्तूंचेर खासा लक्ष दिलां, जीं आदींच खरेदी करतात. गोंयांत पुरवण केल्ल्या भाजये खातीर एक मुखेल सोर्सिंग हब आशिल्ल्या बेळगांवी मार्केटांत विक्रेचे मर्यादीत दीस पळोवन हो उपाय आंखला, जंय फकत बिरेस्तारा आनी शुक्रारा भाज्येची पावणी जाता.गरजेच्या हिरव्या भाजयेचे दर वाडचे नात अशें तांणी सांगले. नाताळाच्या दिसानी भाजयांक जरी वाडटी मांगणी आसली तरी भाज्यांचे दर वाडचे नात हाची जतनाय गोंय राज्य फळफळावळ म्हामंडळ घेतले अशें जाळवणदारांनी सांगलें.

## लायन्स क्लब ऑफ फोंडा

फोंडाच्या लायन्स क्लब ऑफ फोंडा आनी गोवा शिपयार्ड हांणी दक्षिण गोंयांतल्या क्षयरोग दुयेंतींक डिसेंबर महिन्यात फुकट जिवीत गरजेचीं वस्तूचे वाटप केले. दक्षिण गोंयांतल्या भलायकी केंद्रांच्या सुमार 125 दुयेंतींक हीं जिवीत गरजेचीं वस्तू  दिली. गोंय शिपयार्डाच्या सीएसआर येवजणे खाला दर वर्सा क्षयरोगी दुयेंतींक गरजेच्यो वस्तू वांटतात, ही कार्यावळ दक्षिण गोंयांतल्या चिखली, लोटोली, फोंडाचे आयडी हॉस्पिटल आनी दक्षिण गोयातल्या हेर आरोग्य केंद्रांत चालीक लायली. ह्या वेळार  गोंय शिपयार्डाचे मुखेल भलायकी अधिकारी  डॉ.

वेदपाल तारी, गोवा शिपयार्डचे मार्क गोनसल्विस,चिखली भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी , कार्यावळ समन्वयक सुदेश बोरकार फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर, लायन समीर शिंदे, आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना कार्यक्रम समन्वयक सुदेश बोरकार हांणी लायन्स क्लबच्या कार्याची माहिती दिली. मूखार उलयताना तानी सांगलें की लायन्स क्लबाचें काम समाजाच्या जायत्या घटकांक मजतीच्या रुपान संवसारभर चालू आसा आनी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या लायन्स क्लबांनी समाज उपयोगी कामां सतत चलयतात. ह्या वेळार उलयतना तांणी लायन्स क्लबाचे वांगडी समाजांतल्या अंत्योदय तत्वा मेरेन मदत पावपाचें काम सदांच करतात आनी फुडाराक फोंडा लायन्स क्लब कडल्यान जायत्यो उपेगी कार्यावळी चालीक लायतले अशेंय तांणी सांगलें. गोंय शिपयार्डांतल्यान जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें डॉ.वेदपाल तारी हांणी सांगलें, क्षयरोग दुयेंतींक ल्हान ल्हान मजत मेळोवपा खातीर फाटल्या वरसा सावन लायन्स क्लबाचे सहकारान सतत ही कार्यावळ चालीक लायतात. ह्या वेळार उलयतना शिवप्रसाद साळकर हांणी सांगलें की, लायन्स क्लब ऑफ फोंडा पंचक्रोशींत जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात.

पणजी येथील पोलिस मुख्यालयात गोवा पोलिस स्थापना दिवस (Raising Day)साजरा

अँकर :DGP अलोक कुमार यांच्या प्रमुख उपस्थिती मध्ये पणजी येथील पोलिस मुख्यालयाच्या मैदानावर गोवा पोलीस Raising Day साजरा करण्यात आला. यावेळी राज्य भरा मधील पोलीस अधिकारी आणि कर्मचारी उपस्थित होते.सुरुवातीला DGP अलोक कुमार यांनी हुतात्मा स्मारकावर पुष्पचक्र अर्पण करून आदरांजली वाहिली. त्यानंतर त्यांनी परेडची पाहणी केली. पोलीस परेड नंतर बोलताना DGP अलोक कुमार यांनी पोलीस खात्याने गेल्या वर्षे भरात

केलेल्या कामाचा आढावा घेतला. DGP म्हणाले, पोलीस खात्याने कायदा आणि सुव्यवस्था राखण्यात महत्वाची भूमिका बजावली आहे. गुन्हाचा छडा लावण्याची टक्केवारी 87.77 आहे. NDPS ऍक्ट अंतर्गत 157 केसेस मध्ये 201जणाकडून तब्बल 78 कोटी रुपयाचा 236.619 किलो ड्रग्स जप्त करण्यात यश मिळवले आहे.